# भलायकी मंत्र्याहस्तूकीं मानसोपचार हॉस्पिटल इमारत,जीएमसी च्या व्याख्यान सभाघरांची पायाभरणी

ता. 14 जानेवारी 2019
24 पौष 1940

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजित राणे हांणी आयज बांबोळे मानसोपचार आनी मनीस सभाव संस्थेच्या नव्या 100 खाटांच्या हॉस्पिटल इमारत बांदकामाची सांतआंद्रेचे श्री.फ्रांसिस सिल्वेरा, भलायकी सचिव श्री. जे.अशोककुमार, भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी, गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे डीन डॉ. प्रदीप नाईक आनी हेर अधिका-यांच्या उपस्थितीत पायाभरणी केली. मानसोपचार हॉस्पिटल विस्ताराच्या दुस-या टप्प्यात ही नवीन इमारत गोंय राज्य साधनसुविधा विकास महामंडळावतीन बांदपात येता.

मानसोपचार आनी मनीस सभाव संस्थेच्या प्रकल्पात सध्या 190 खाटांची वेवस्था आसा आनी नियोजित इमारतीत 100 खाटांची वेवस्था आसतली. मानसोपचार संस्थेत मनोरूग्णांचेर उपचार करपावांगडाच मानसोपचार शिक्षणाची सुविधा आसा. संस्थेतली मानसोपचार सेवा, प्रशिक्षण, मानसोपचार अभ्यासक्रमातले जागे वाडोवप, मानसोपचार नर्सिंग आनी हेर सुविधांनी सुदारणा आनी विस्तार करपाखातीर नवीन इमारतीची गरज आसा.

उपरांत भलायकी मंत्र्यान गोंय वैजकीय महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल प्रकल्पात तीन मॉडयूलर ऑपरेशन थिएटरांचे गोंय राज्य साधनसुविधा विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. दिपक प्रभू पाऊसकर, उपाध्यक्ष श्री. सिध्दार्थ कुंकळ्येकर आनी हेर अधिका-यांच्या उपस्थितीत उक्तावण केले. हया ओटी विभागाखातीर चार कोटी रूपया खर्च केला. तशेंच भलायकी मंत्र्यान गोंय वैजकीय महाविद्यालयाच्या नव्या तीन व्याख्यान सभाघरांच्या बांदकामाचीय पायाभरणी केली.

हया वेळार उलयताना भलायकीमंत्री श्री. विश्वजित राणे हांणी गोंय वैजकीय महाविद्यालयातले डॉक्टर, परिचारीका आनी हेर कर्मचा-यांनी दुयेंतीक बरी भलायकी सेवा दिवन गोंय हे उत्कृश्ट भलायकी सेवा आशिल्ले हब करपाक हातभार लावपाची मागणी केली.

आमदार श्री. फ्रांसिस सिल्वेरा, श्री. दिपक पाऊसकर, श्री. सिध्दार्थ कुंकळ्येकर हांचेय हया वेळार उलवप जाले.

गोंय दंत महाविद्यालयाचे डीन डॉ. आयडा आथाईद, गोमॅकोचे वैजकीय अधिक्षक डॉ. शिवानंद बांदेकर, डॉ. राजनंदा देसाई, गोंय राज्य साधनसुविधा विकास महामंडळाचे सरवेवस्थापक श्री. ज्युड कार्वाल्हो, कर्मचारी आनी विद्यार्थी कार्यक्रमात हजर आशिल्ले.

सुरवेक गोमॅकोचे डीन डॉ. प्रदीप नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

मा/वाप/टीएसरसां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/34